7.20 pm Date :३०/04/2026

मुखेल खबरो

येत्या विधानसभा वेंचणुकेच्या फांटभूयेर कार्यावळी नेटान करून संघटन घटमूट करात असो सल्लो भाजपाचे राष्ट्रीय अध्यक्ष नितीन नबीन हांणी प्रदेश अध्यक्ष दामू नायक हांका दिला.

सहकार मंत्री सुभाष शिरोडकर हांणी गोंय राज्य सहकारी धोरण 2026 आयजच्यान चालीक लावपाची घोशणा केल्या. ह्या धोरणाक लागून राज्यांतल्या सहकारी क्षेत्राक बळगें मेळटलें

फेमिना मिस इंडिया पुरस्कार मेळिल्ल्या साध्वी सैल हिका आयज वास्कोत येवकार दिलो

पर्वरी इलिव्हेटेड कॉरिडोअराचें काम मुजती पयली म्हळ्यार चवथी पयलींच पुराय जावन उक्तावण जातलें, अशें भौशीक बांदकाम खात्याचे मंत्री दिगंबर कामत हांणी सांगलां.

गनेश ९५

येत्या विधानसभा वेंचणुकेच्या फांटभूयेर कार्यावळी नेटान करून संघटन घटमूट करात असो सल्लो भाजपाचे राष्ट्रीय अध्यक्ष नितीन नबीन हांणी प्रदेश अध्यक्ष दामू नायक हांका दिला. मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत आनी प्रदेश भाजप अध्यक्ष दामू नायक हांणी आयज दिल्लीत राष्ट्रीय अध्यक्ष नितीन नबीन हांची भेट घेतली. भेटी उपरान प्रदेश भाजप अध्यक्ष दामू नायक हांणी ही म्हायती दिली. संघटन घटमूट करपा सयत संघटणात्मक कार्याविशी आमची चर्चा जाली. मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत तशेच मझेकडल्यान तांणी पक्षकार्याविशी म्हायती जाणून घेतली, अशें दामू नायक हांणी सांगलें.संघटणा घटमूट करपा सयत कार्यकर्त्यांकडलो संपर्क वाडोपाविशी चर्चा जाल्याची म्हायती मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी व्टिट करून दिल्या.

रश्मि

गोंय राज्य सहकारी धोरण 2026 आयजच्यान चालीक लावपाची घोशणा केल्या ह्या धोरणाक लागून राज्यांतल्या सहकारी क्षेत्राक बळगें मेळटलें अशें मंत्री सुभाष शिरोडकार हांणी सांगलें. सहकार क्षेत्र घटमूट करपा खातीर खात्यान जीसीसीआय आनी वेगवेगळ्या खात्यां कडेनय सम्जिकयेचि कबलात केला अशी म्हायती ताणी दील्या.

पयलेच खेपे गोंयांत सहकारी धोरण तयार जालां. तातूंत सहकारी क्षेत्रांतल्या कर्मचाऱ्यांक प्रशिक्षण, संस्थां खातीर अर्थीक मजत, डिजिटलीकरण, आनी तक्रार निवारण प्राधिकरणाची स्थापणूक अशीं वेगवेगळीं शिफारशीं आसात अशी म्हायती सहकार धोरण समितीचे अध्यक्ष नरेंद्र सावाईकर हांणी दील्या.

इतलेमजगती गोंय सहकार खाते आनी गोंय भौशीक प्रशासन आनी ग्रामीण उदरगत संस्था (जीपार्ड), गोंय वाणिज्य आनी उद्देग मंडळ (जीसीसीआय), आनी गोंय राज्य जैव विविधताय मंडळ (जीएसबीबी) हांचे मदीं सहकार मंत्री सुभाष शिरोडकर हांच्या हाजिरेंत आयज तीन कबलाती जाल्यो

सुशांत

भुवनेश्वर हांगा जाल्ल्या ६१व्या फेमिना मिस इंडिया विश्न्व सुंदरी सर्तीत जैतवंत जाल्ली गोयची साध्वी सैल हिका आज दाबोळेच्या विमानतळाचेर गोयच्या लोकांकडल्यान येवकार मेळ्ळो. आयज दनपरा साध्वी विमानतळावयल्यान भायर सरले उपरांत लोकांनी फुलांचे तुरे दिवन तिका येवकार दिलो.ह्यावेळार साध्वी सैल हिचे बापूय आनी कारवारचे आमदार सतीश सैल तसेच वास्कोचे आमदार कृष्णा साळकार हे हाजीर आशिल्ले. ह्यावेळार उलयताना साध्वी सैल हांणी आपूण गोंयची धूव हेविशीं आपल्याक अभिमान आसा आनी ही सर्त आपूण जिखिल्ल्यान गोयचे नाव आता पुराय संवसारात पावतले हाचो आपल्याक चड अभिमान आसा अशें सांगलें.साध्वी सैल हिका येवकार दिवपाखातीर लोकांनी दाबोळी विमानतळाभायर गर्दी केल्ली. उपरांत मिरवणुकेन तिका वास्कोच्या दामोदर सालात व्हेले. थंय तिने देव दामोदराचो आशिर्वाद घेतलो.

DIP

मये मतदारसंघातल्या कोडाळ-कारापूर गावांतल्या सर्वे नं. 104/4बी तल्यान 600 एमएम डीआय पायपलायनीचे ताकतीकेन स्थलांतर करपाचें आशिल्ल्यान तारीख 5 आनी 6 मे 2026 दिसा पुराय दिवचल, साखळी, मये मतदारसंघात आनी पर्ये मतदारसंघातल्या कांय वाठारांत मर्यादीत उदका पुरवण जातली, अशें उदका पुरवण विभागान कळीत केला.

मज्गति 160 एमएलडी साळावली उदका प्रकल्पाच्या पायपलायनीचे ताकतीकेन दुरूस्ती काम करपाचे आशिल्ल्यान तारीख 5 आनी 6 मे दिसा केपे, कुंकळ्ळी, कुडतरी, मडगांव, दक्षीण गोंय दर्यादेग वाठार, फातोर्डा, नुवें, कुठ्ठाळी, दाबोळी, वास्को आनी मुरगांव मतदारसंघांत उदका पुरवण जावची ना जाल्यार 7 मे  दिसा मर्यादीत प्रमाणात उदका पुरवण जातली. 100 एमएलडी साळावली उदका प्रक्रिया प्रकल्प सदचेवरी चालू आसतलो. गिरायकांनी ह्या गैरसोयिची नोंद घेवची, अशें पिवपा उदका पुरवण विभागान कळीत केला.

आता मुखवेल्यो खब्रो

गनेश

पर्वरी इलिव्हेटेड कॉरिडोअराचें काम  मुजती पयली म्हळ्यार चवथी पयलींच पुराय जावन उक्तावण जातलें, अशें  भौशीक बांदकाम खात्याचे मंत्री दिगंबर कामत हांणी सांगलां.

चवथीक गणपतीक येवकार आनी विसर्जनूय ह्या नव्या इलिव्हेटेड मार्गावेल्यान जातलें, अशें तांणी सांगलें.

पर्वरी इलेव्हेटेज कॉरिडोअरच्या हॉट मिक्सिंग कामाचें आयज उक्तावण जालें. ह्या वेळार पर्यटन मंत्री रोहन खंवटे, साळगांवचे आमदार केदार नायक, कंत्राटदार आनी अभियंते हाजीर आशिल्ले.

पर्वरे हो भाग पणजी आनी उत्तर गोंयांक जोडपी मुखेल महामार्ग आशिल्ल्यान हांगा सदांच येरादारीची कोयंडी जाता. पर्वरी जंक्शनावेल्या वाडपी वाहनांच्या आंकड्याक लागून जावपी कोयंडी टाळपा खातीर हो इलिव्हेटेड कॉरिडोअर उबारतात.

कामाचे गुणवत्ते कडेन कसलेच तरेची तडजोड करि नासतना वेळार काम पुराय करपा खातीर संबंदीत अधिकाऱ्यांक आनी कंत्राटदाराक सुचवण्यो दिल्यो.

SUSHANT

सेंट फ्रान्सिस झेवियर हाच्याआड आक्षेपार्ह भाशण केल्याच्या आरोपाखाला अटक केल्ल्या गौतम खट्टर हाणे आपल्याक जामिनाचेर सोडचो हे खातीर वास्को न्यायालयामुखार केल्ल्या अर्जावर आयज सुनावणी पुराय जाली. वास्कोच्या पयलो वर्ग न्यायाधीश पूजा देसाय हांणी ह्या अर्जावयलो निकाल शेनवार

२ मे मेरेन राखून दवरला.

आयज पोलिसावतीन बाजू मांडताना पालवी सरकारी वकील लक्ष्मण सावंत हांणी ह्या जामीनाक विरोध करताना गौतम खट्टर हाणे ज्या मोबायलावेल्यान आयोजकाकडेन संपर्क सादिल्लो तो मोबायल जप्त करप अजून बाकी आसा असे न्यायालयाक सांगलें. जाल्यार गौतम खट्टर हाच्या आवाजाचे नमुने पुलिसांनी घेतिल्ले आसात त्याखातीर ताका पोलीस कोठयेत दवरुन कसलोच फायदो ना असो दावो करीत जामीन दिवचो अशी मागणी केली.

MAHESH

“प्रामाणिक वृत्ती, निरंतर यत्न, घरच्यांचो फावो तसो आधार आनी देवाचे आशीर्वाद हांतल्यान मनशाची जीण फळादीक जावंक पावता हाचो भोव बरो अणभव हांवें घेतला. गरीब परिस्थितींतलें भुरगेपण, मागीर शिक्षणा खातीर धडपड, उपरांत फुटबॉल सारखो खेळ, तियात्र-मांडो सारकीं कला-माध्यमां आनी सरपंचपदा वेल्यान लोकसेवा हांतल्यान म्हजें जिवीत घडत गेलें. तांचोच एक वांटो म्हण भोवबऱ्यो संस्था उब्यो जावंक पावल्यो आनी त्यो आजवेर नेटान वावार करतात. हें सगळें घडूंक पावलें तें म्हज्या वाड-वडिलांचे पुण्यायेन” अशें नामनेचे कलाकार श्री. तोमाझिन कार्दोज हांणी तांच्या भोवमान सुवाळ्या वेळार सांगलें.

तॉमास स्टीफन्स कोंकणी केंद्र पर्वरी आनी एथरनेट एक्सप्रेस फावंडेशन हांच्या जोड पालवान पर्वरी ‘लेट्अस ऑनर अवर हिरोस’ हे कार्यावळी खाला तांचो भोवमान केलो तेन्ना ते उलयताले.

DIP

प्रायम एडव्हर्टायजिंग/शायनी पिपल ,पणजी हांणी ३ मे दिसा मांडवी न्हंयत रायबंदर जेटी लागी सकाळी 10.00 ते 11.00 वरा मजगती उकती पेंवपा सर्त आयोजीत केल्या. ते खातीर मांडवी न्हंयत वयल्या सुवाती मजगतीच्या उदका मार्ग क्षेत्रातल्यान येरादारी करपी सगळ्यों बार्जीं, प्रवासी लाँची, क्रुईज बोटी, उदकाखेळ बोटी, पनेळ, फेरीबोटीं, नुस्तेमारी बोटीं, आनी हेर यांत्रिकीं आनी बिनयांत्रिकीं नाविकांनी पेंवपा सर्तीक कसलीच आडखळ येवची न्हय म्हुण वयल्या काळांत बारीक नदर दवरून, सवकसेयेन येरादारी करची आनी गरज पडली जाल्यार सुरक्षीत अंतराचेर रावचे. तशेंच गस्तीचेर आशिल्ल्या बोटीवयल्यान तांबडो बावटो दाखोवन दिवपात येवपी सुचोवण्यांक पाळो दिवचो, अशें कॅप्टन ऑफ पोर्टस् खात्यान कळीत केला.

प्रसद

फोंडा बाजारपेठेंत सद्या रानफळांची आवक वाडल्या आनी काण्णा, जांबळांक ग्राहकां कडल्यान बरी मागणी आसा.बाजारपेठेंत फाटल्या कांय दिसां सावन निरफणस विकपाक मेळूं लागला दुसरे उकडे तांदूळ, कोकम सोल ह्या थळाव्या उत्पादनांक ग्राहकां कडल्यान व्हड प्रमाणात मागणी वाडल्या. ग्रामीण वाठारांतल्यान व्हड्या प्रमाणांत मानकुराद आंबो बाजारांत दाखल जाल्ल्यान दराक उणाव जाला. तशेच काणकोण  खोला मिरसांग बाजारांत दाखल जाल्या आनी हाचे भायर हेर प्रकारच्यो  मिरसांगो विकपाक उपलब्ध आसात.

Ek kalovni

आकाशवाणी पणजी- 60

आकाशवाणी पणजी 'कॅज्युअल असाइनीज', न्यूज रीडर-कम-ट्रान्सलेटर ह्या वर्गवारीत तात्पुरत्या कराराचेर एम्पॅनलमेंट खातीर पात्र उमेदवारांकडल्यान अर्ज मागयला. अर्ज करपाक निमणी तारीख आसा 17 मे आसा. उमेदवार पदवीधर आसपा वंग्दाच ताची पीराय 21 ते 50 वर्सां आसची. कोंकणी भाशेचें गिन्यान तशेंच इंग्लीश-कोंकणी आनी कोंकणी-इंग्लीश अणकार करपाचें कसब आसचें.
अधिक म्हायती खातीर 7020672710 ह्या क्रमांकाचेर वा rnuairpanaji[at]gmail[dot]com ह्या ई-मेलाचेर संपर्क करचो.

खेळ  ३०

गोंय क्रिकेट संघटणेन आयोजीत केल्ल्या गोवा प्रिमियर डिव्हिजन वन डे लीग चे उपांत्य फेरयेंत जिनो एससीन एमसीसीक  सुपर ओव्हरींत हारयलें, जाल्यार साळगांवकारान चौगुलेचो फायनलींत आपली सुवात निश्चीत केली. फायनल फाल्यां जातली.

हवामान

राज्यांतल्या काय वाठारानी आयज गडगड मारून पावस  पद्पाचो अदमास पणजी वेधशाळेन उक्तायला.खात्यान नोंद केलां ते प्रमाण पणजेंत चडांत चड तापमान। 35 .४ अंश सेल्सिअस जाल्यार उण्यांत उणे २८.६ अंश सेल्सिअस नोंद जाला. मुरगांवांत चडांत चड।3४.८ अंश
सेल्सिअस जाल्यार उण्यांत उणे। 28.७ अंश सेल्सिअस तापमानाची नोंद

परतून एक फावट काय  मुखेल खबरो

येत्या विधानसभा वेंचणुकेच्या फांटभूयेर कार्यावळी नेटान करून संघटन घटमूट करात असो सल्लो भाजपाचे राष्ट्रीय अध्यक्ष नितीन नबीन हांणी प्रदेश अध्यक्ष दामू नायक हांका दिला.

सहकार मंत्री सुभाष शिरोडकर हांणी गोंय राज्य सहकारी धोरण 2026  आयजच्यान चालीक लावपाची घोशणा केल्या.  ह्या धोरणाक लागून राज्यांतल्या सहकारी क्षेत्राक बळगें मेळटलें

फेमिना मिस इंडिया पुरस्कार मेळिल्ल्या साध्वी सैल हिका आयज वास्कोत येवकार दिलो

पर्वरी इलिव्हेटेड कॉरिडोअराचें काम  मुजती पयली म्हळ्यार चवथी पयलींच पुराय जावन उक्तावण जातलें, अशें  भौशीक बांदकाम खात्याचे मंत्री दिगंबर कामत हांणी सांगलां

इतल्यान हयो प्रादेशिक खबरो सोपल्या आमचे फुडले खबरापत्र तुमका आयकुक मेळटले फाल्या सकाळी सात जावण 25 मिंनटाचेर.